प्रादेशिक खबरो

15.07.2025 @ 7.25 am

Rashmi 110

चोडण रायबंदर मार्गाचेर गंगोत्री आनी द्वारका ह्या नावाच्यो अत्याधुनिक यंत्रणेचेर आदारीत दोन रो- रो फेरीबोट सेवेचे लोकार्पण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले.फुडारात रोरो फेरीबोट सेवा ह्या मार्गाचेर सुरु करपाचो सरकाराचो चार आसा अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

पयली बशेन अर्दे अर्दे वर फेरीबोटीची वाट पळोवच्या परस फकत 12 मिनिटां भितर प्रवाशांक आता आलतडच्या पलतडी वचपाक ह्या फेरीबोटीच्या माध्य़मातल्यान शक्य जातले अशें अंर्तगत जलमार्ग खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी सांगले.

केंद्रिय वीज राज्यमंत्री आनी उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक तशेंच राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी ह्या फेरीखातीर फेरीबोटीची बरी सेवा प्रवाशांक मेळटली, तशेचं पर्यटकांखातीर लेगीत हे विशेश आर्कर्शण आसतले आशें म्हणला, ह्यावेळार मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हाजीर आशिल्ले.

Ganesh 60

राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लय हांचो कार्यकाळ सोपपाक आयिल्ल्यान नव्या राज्यपालांची नेमणूक जाल्या. आदले केंद्रीय नागरी उड्डाण मंत्री पुसापती अशोक गजपती राजू हांका गोयचे राज्यपाल म्हण नियुक्ती केल्या मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे सयत हेर मंत्री तशेच राजकी पक्षांनी तांचे नेमणुकेक येवकार दिला.

राजू हे २५ वर्सां परस चड काळ आंध्र प्रदेश राज्य विधिमंडळाचे वांगडी आशिल्ले आनी १३ वर्सां आंध्र प्रदेश सरकारात मंत्री आशिल्ले.

Rashmi 150

Goa AI mission 2027 चो मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जालो .प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशभरात India AI mission सुरू केल्याच्या फांटभुयेर गोंयात हो उपक्रम चालीक लायला.गोंयात सध्या 550 परस चड IT start ups आसात,शैक्षणीक आनी संबंधीत उद्देगांच्या जोडपालवान गोंयात AI मळाक आनीक घटमुट करू येता, हाचे फुडे शाळांच्या विद्यार्थ्यांक लेगीत AI विशय शिकोवपाचो सरकाराचो विचार आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. AI मळावेल्या तज्ञांच्या जोडपालवान सरकार कांय दीसानीच AI

council स्थापन करतले अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दील्या.हे शिवाय goa start up accelarative prog. सरकार चालीक लायतले अशीय म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दील्या.

डीजीटल माध्यमाच्या काळात गोंयाक देशातले AI model करपाची मोख सरकारान दवरला अशी म्हायती तंत्रगिन्यान गात्याचे मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिली. .गोयात creative space खातीर वाव मेळपाक लागला,IT मळावेले start up गोंयात नेट धरपाक लागला,जागतीक तशंच देशातल्या हेर राज्यातले IT start ups गोंयात सुरू जाल्यांन गोंयच्या तरणाट्यांक लेगीत ह्या मळार रोजगार मेळपाक लागला अशे मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.

प्रसाद 90

प्रभुनगर फोंडा हांगा संगीत मोगींच्या हाजेरेंत गिटार वर्गाचें उक्तावण जालें. ह्या काऱ्यक्रमाक नामनेचो संगीत दिग्दर्शक, संगीतकार, पियानोवादक रोनी मोन्सेरात, संगीत दिग्दर्शक रॉकी लाझारस, गोवा फॉर गिव्हिंग ट्रस्टचो संस्थापक अरमांडो गोंसालवीस , गोयची नामनेची गायिका सोनिया शिरसाट, , समाजीक वावुरपी आदर्श अशोक तोरास्कर, वसंती शेनवी, जादूगार प्रेमानंद पाटील आनी संगीत शिक्षक ग्लॅडसन सालदाना, संजय राणे, उदय सेल हाजिर आशीलले .

हो उपक्रम "गोवा फॉर गिव्हिंग" ट्रस्ट आनी "आदर्श सेवा फावंडेशन" आणि जोडपालवान घडोवन हाडला, जो गोंयांत संगीत शिक्षणाक चालना दिवप आनी तरणाट्या प्रतिभेक पोसवण दिवपाचो हेतू आसा अशें आर्मांड गोंसाल्वीसान ह्या वेळार उलयतना सांगलें.

राजेश 30

अंत्योदय तत्वाचेर गोंय सरकार काम करत असताना अंत्योदय, सर्वोदय आणि ग्रामोदय या मळाचेर सरकाराचो वावर चालू आसा अशे दिवचल मतदार संघातल्या मेणकुऱ्यां हांगा 10 एमएलडी वॉटर ट्रीटमेंट प्लांट च्या बुनियादी फातर बसोवपाच्या सुवाळ्यांत मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत उलयताना म्हणले. byte

स्पोर्ट्स

फोंडाच्या स्पोर्ट्स कॉम-एक्सत अव्वल मानांकित एरोन फारियास आणि दुसऱ्या मानांकित चंदन कॅरो यांनी ऑल गोआ मेजर रँकिंग टेबल एनिस टूर्नामेंटत -१९ वर्सा सकयल्या चलयाच्या अंतिम फेरीत स्थान मेळयलें.

IMD 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान **31.4** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **26** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले **काय** दिस व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला